राष्ट्रीय खबरो

०५.०८.२०२५ @ 8.40

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी फिलीपीन्सचे अध्यक्ष फर्डिनांड रोमुअल्देझ मार्कोस जुनियर आयज नवी दिल्लींत उच्चस्तरीय शिष्टमंडळ उलोवणी करतले.
- युक्रेन संघर्शा उपरांत रशियेंकडेच्यान तेल आयात करपाचेर अमेरिका आनी युरोपीय संघटणेन भारताक लक्ष्य करप अन्यायकारक आनी अवास्तव आसा अशें परराश्ट्र मंत्रालयान म्हणलां.
- राष्ट्रीय लोकशाही आघाडी म्हल्यार (एनडीए) संसदीय पक्षाची म्हत्वाची बसका आयज सकाळीं नवी दिल्लींत जातली
- अँडरसन-टेंडुलकर ट्रॉफीचे निमाणे क्रिकेट कसोटींत भारतान यजमान इंग्लंडाचेर स धांवड्यांनी रोमांचक जैत मेळोवन पाच सामन्यांच्या मालिकेत २-२ अशी बरोबरी साधली.

मोदी 100

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी फिलीपीन्सचे राष्ट्राध्यक्ष फर्डिनांड रोमुअल्देझ मार्कोस जुनियर आयज नवी दिल्लींत उच्चस्तरीय शिष्टमंडळ उलोवणी करतले. राष्ट्राध्यक्ष मार्कोस भारताच्या पांच दिसांच्या भोंवडेर आसात. दोनूय फुडाऱ्यां मदल्या चर्चेक लागून द्विपक्षीय भागीदारी खूब घटमूट जातली असो विस्वास परराश्ट्र मंत्री डॉ. डॉ. एस जयशंकर यांनी विश्वास व्यक्त केला. द्विपक्षीय उलोवपा वेळार भारत आनी फिलीपीन्स वेपार आनी गुंतवणूक, संरक्षण आनी सुरक्षा, दर्या मळार सहकार्य, शेतकी, भलायकी जतनाय, वखदां आनी डिजिटल तंत्रगिन्यानाचेर लक्ष केंद्रीत करून द्विपक्षीय संबंदांच्या पुराय क्षेत्राचो नियाळ घेतले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी फिलीपीन्सचे राष्ट्राध्यक्ष फर्डिनांड मार्कोस हांच्या हाजिरेंत वेगवेगळ्या क्षेत्रांतल्या जायत्या समजीकायेच्या कबलातीचेर सय जावपाची शक्यताय आसा. भारत-फिलिपीन्स द्विपक्षीय संबंदांत अर्थीक संलग्नताय हे महत्वाचे आसा

परराश्ट्र 100

युक्रेन संघर्शा उपरांत रशियेंकडेच्यान तेल आयात करपाचेर अमेरिका आनी युरोपीय संघटणेन भारताक लक्ष्य करप अन्यायकारक आनी अवास्तव आसा अशें परराश्ट्र मंत्रालयान म्हणलां. खंयचेय व्हड अर्थवेवस्थे प्रमाण भारतूय आपले राश्ट्रीय हित आनी अर्थीक सुरक्षा राखपा खातीर गरजेचे सगळे उपाय करतलो अशें मंत्रालयान एका निवेदनांत म्हणलां. संघर्श सुरू जाले उपरांत पारंपारीक पुरवण युरोपांकडे वळईल्ल्यान भारतान रशियेंतल्यान तेल आयात करपाक सुरवात केली अशेंय मंत्रालयान सांगलां. संवसारीक उर्जा बाजारांतली स्थिरताय घटमूट करपाखातीर त्या काळांत भारतांतल्यान अशी आयात करपाक अमेरिकेन सक्रीयपणान प्रोत्साहन दिल्लें. भारताची आयात भारतीय गिरायकांक अदमाशी  आनी परवडपी उर्जेचे दर सुनिश्चीत करपा खातीर आसा आनी संवसारीक बाजारपेठेची परिस्थिती पळयल्यार ही एक गरज आसा हाचेर मंत्रालयान भर दिलो.

एनडीए 140

राष्ट्रीय लोकशाही आघाडी म्हल्यार (एनडीए) संसदीय पक्षाची म्हत्वाची बसका आयज सकाळीं नवी दिल्लींत जातली. हे बसकेक लोकसभा आनी राज्यसभेचे एनडीएचे वांगडी हाजीर आसतले. बिहारांतल्या वेंचणूक वळेरेंतल्या विशेष सघन सुधारणा (SIR) विशीं विरोधी पक्षांनी चर्चा करपाची मागणी करताना संसदेंत चालू आशिल्ल्या गोंधळाच्या  फाटभुंयेर ही बसका जातां. विरोधी पक्ष एसआयआर फाटीं घेवपाची मागणी करतात. विरोधकांच्या निशेधा मदीं काल लोकसभेंत राष्ट्रीय खेळां प्रशासन विधेयक, 2025 आनी राष्ट्रीय अँटी डोपिंग (दुरुस्ती) विधेयक, 2025 हांचेर चर्चा करपाक मेळूंक ना. सर्वपक्षीय बसके उपरांत राष्ट्रीय खेळां विधेयक आनी डोपिंग विरोधी विधेयकाचेर चर्चा करपा खातीर वेवसायीक सल्लागार समितीचे बसकेंत वेळ दिला अशें संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी सांगलें. सभाघराचो वेळ वाया घालचो न्हय अशें आवाहन करून सदस्यांच्या  भुमिकेचो निशेध केलो. केंद्रीय खेळां मंत्री मनसुख मांडविया हानी  हे विधेयक म्हत्वाचे अशें सांगून विरोधी वांगड्यांक चर्चा करपाक परवानगी दिवचें अशें आवाहन केलां. अध्यक्षपदाचेर

आशिल्ल्या भाजपा खासदार जगदंबिका पाल हांणीय वांसदस्यांक ही चर्चा चालू दवरपाचो उलो मारला.

Mandviya 70

केंद्रीय कामगार आणि रोजगार मंत्री मनसुख मांडविया हाणी सांगले की, फाटल्या १६ महिन्यांत रोजगार मेळाव्याअंतर्गत ११ लाखां परस चड इच्छुकांक नोकरी मेळल्यात. लोकसभेत एका पुरवणी प्रश्नाक जाप दितना केंद्रीय मंत्र्यान म्हणले की, आरबीआयच्या अहवाला प्रमाण, फाटल्या दशकात १७ कोटींपरसअधिक तरणांट्यांक रोजगार मेळला. कृषी क्षेत्रात रोजगार निर्मिती १६ टक्क्यावेल्यान १९ टक्क्यांपर्यंत वाढली . बेरोजगारीचो दर ३.२ टक्क्यांपर्यंत घसरला , जो कितलेशाच विकसित देशांमदी दिसपी दरांपेक्षा लक्षणीयरीत्या कमी आसा, अशेय त्यांनी नमूद केले. **BYTE SERVICE SECTOR**

संरक्षण 60

संरक्षण मंत्रालयान पहलगाम हल्लेखोरांची वळख आनी फाटभूंय हांचे विशीं कसलोच अहवाल जारी करपाक न्हयकार दिला. सोशल मिडियाचेर सशस्त्र दळाक जापसालदार धरील्ल्या खबरांक जाप म्हण मंत्रालयाचें हें निवेदन आयलां. सशस्त्र दळांच्या जनसंपर्क कार्यालयांनी वा खंयच्याय नामांकित प्रवक्त्यान अशी कसलीच टिप्पणी करूंक ना अशें तातूंत म्हणलां. मंत्रालयान फुडें म्हणला कि हो अहवाल उक्त्या स्रोतां वयल्यान एकठांय केल्ल्या चकमकी उपरांतच्या निष्कर्षांचे संकलन आसा अशें दिसता.

कर्तव्य 65

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां नवी दिल्लीच्या कार्तव्य पथाचेर कर्तव्य भवनाचें उक्तावण करतले. आनी भौशीक कार्यावळीत उलोवप करतले. कर्तव्य भवन हो सेंट्रल विस्टाच्या व्यापक परिवर्तनाचो एक भाग. प्रशासकीय प्रक्रिया सुलभ करपाक आनी चपळ प्रशासन सक्षम करपाक येवपी जायत्या सादारण केंद्रीय सचिवालय इमारतीं मदली ही पयली.सध्या दिल्लींत विखुरलेल्या वेगवेगळ्या मंत्रालयांक आनी

खात्यांक एकठांय हाडून कार्यक्षमताय, नावीन्य आनी सहकार्याक चालना दिवपा खातीर कर्तव्य भवन तयार केला अशें प्रधानमंत्री कार्यालयान निवेदनांत म्हणलां.

मातृ वंदना 45

बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्रालयान प्रधानमंत्री मातृ वंदना येवजणे खातीर खाशेली नोंदणी मोहीम ह्या म्हयन्याचे 15 तारखे मेरेन वाडयल्या. आंगणवाडी आनी आशा कामगारांच्या फुडारपणा खाला घरोघर वचून जागृताय-सह-नोंदणी मोहीम PMMVY, सगळ्या पात्र गुरवार आनी स्तनपान दिवपी बायलां मेरेन पावपाचो आनी येवजणे खाला तांची वेळार नोंदणी सुनिश्चित करपाचो हेतू आसा.

Jarkhand 110

झारखंडाचे आदले मुख्यमंत्री,शिबू सोरेन हांका काल  मरण आयले.तांच्या सन्मानार्थ राज्य सरकारान तीन दिसांचो राजकीय शोक जाहीर केला. तांच्या मरणाबद्दल राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आणि हेर मानेस्तांनी शोक व्यक्त केला . सोशल मीडिया पोस्टत राष्ट्रपती मुर्मू हाणी म्हणला की, सोरेन यांचे मरण हे सामाजिक न्यायाच्या क्षेत्रात व्हड नुकसान आसा. त्यांनी आदिवासी वळख आणि झारखंड राज्याच्या निर्मिती खातीर  फुढाकार घेतिल्लो. लोकांच्या, खासा आदिवासी समुदायांच्या कल्याणाचेर त्यांनी दिल्लो भर सदाच लक्षात उरतलो अशे राष्ट्रपतींनी म्हळा. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांनी झारखंडचे आपले मुख्यमंत्री हे तळागाळातले फुडारी म्हण वळखताले ते भौशिक जीणेत जनतेप्रती अढळ समर्पणान मुखार आयले. सोरेन आदिवासी समुदाय, गरीब आणि दलितांक सक्षम करपाक वावुरताले संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणीय श्रद्धांजली ओपताना तांका सगळ्यात ज्येष्ठ पुडाऱ्यापैकी एक अशे म्हळे

**Byte**

रीजीजू  70

चीनान भारतीय वाठाराचेर  कब्जो केल्ल्या विशीं काँग्रेस फुडारी राहुल गांधी हांणी सांगिल्ल्या विधानाचेर संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हानी टिका केल्या. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना रिजिजू हानी सांगलें कि गांधी हानी केल्ल्या निराधार दाव्या संबंदी सर्वोच्च न्यायालयान हे संबंदीं खर निरिक्षणां नोंद केल्यात .सर्वोच्च न्यायालयान अशीं खर निरिक्षणां वेळार आनी योग्य रितीन केल्यांत अशें रिजिजू हांणी सांगलें. गांधी हानी  केल्लीं अशीं विधानां देशाखातीर खूब हानीकारक आसात अशें रिजिजू हांणी नदरेक हाडलें.

नीती 70

नीती आयोगान 'अनलॉकिंग द 200 अब्ज डॉलरस ऑपर्च्युनिटी: इलेक्ट्रीक वेहीकल्स इन इंडिया' आनी इंडिया इलेक्ट्रिक मोबिलिटी इंडेक्स (IEMI) चि पयली आवृत्ती नवी दिल्लींत प्रकाशित केली. इलेक्ट्रीक वाहनांतल्या 200 अब्ज डॉलराची संद उक्ती करपा विशींच्या अहवालांत प्रोत्साहन दिवपा पासून उच्च क्षमताय आशिल्ल्या वाहन विभागांचेर आनी भौगोलिक क्षेत्रांचेर लक्ष केंद्रीत करपाचो हाचो हेतू आसा. तशेंच सध्या आपणावपा खातीर म्हत्वाचीं आडमेळीं आशिल्ल्या इलेक्ट्रीक बशी आनी ट्रकां खातीर अर्थीक आदार सक्षम करपाचोय हेतू आसा.

क्रिकेट 40

काल सांजवेळा लंडनांतल्या द ओव्हलांत जाल्ले अँडरसन-टेंडुलकर ट्रॉफीचे निमाणे क्रिकेट कसोटींत भारतान यजमान इंग्लंडाचेर स धांवड्यांनी रोमांचक जैत मेळोवन पाच सामन्यांच्या मालिकेत २-२ अशी बरोबरी साधली. भारतान थारायिल्ल्या 374 धांवड्यांचे  लक्ष्य गाठताना येजमान पंगडान पांचव्या दिसा दुसऱ्या डावांत 367 धांवड्यो करून ओल आउट जालो

फुटबाल 70

फुटबॉलांत काल इम्फाळांतल्या खुमान लंपक मुखेल स्टेडियमाचेर जाल्ल्या 134व्या इंडियन ऑयल डुरंड कपांतल्या गट एफ मॅचींत रियल काश्मीर एफसीन थळाव्या आवडत्या टीआरएयू एफसीचर 2-1 अशी हार घाली. 24 व्या मिणटार मारक तारेकान रियल काश्मीराक आघाडी दिली, पूण दोन मिनिटां आदीच टीआरएयू एफसीच्या आफ्रीदी बुयामायुमान 1-1 अशी बरोबरी केली . 64 व्या मिणटार हो निर्णायक खीण आयलो तेन्ना मणिपुरी मिडफिल्डर निंगथुखोंगजाम रोहेन सिंगान आपल्या घराच्या पंगडा आड खेळत भायल्यान एक शानदार गोल करून जैत मेळयलें.

हवामान 55

भारतीय हवामान खात्यान तमिळनाडूच्या घाट वाठारांनी आणि केरळांत फाल्यां मेरेन घोग्यांनी पावस पडपाचो रेड अलर्ट दीला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण फुडले 3 ते 4 दिस तमिळनाडू, केरळ, माहे, दर्यादेग आनी दक्षिण आंतराळ कर्नाटक, दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेश आनी लक्षद्वीपात नेटान पावस चालू उरतलो.तशेंच आयज जम्मू-काश्मीर, पंजाब, हरियाणा, उत्तर प्रदेश, हिमाचल प्रदेश आनी उत्तराखंड हांगाय हीच परिस्थिती आसतली.